5TH April 2026 7.25am

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या

DIP

दक्षिण गोंयची जिल्होधिकारी आनी जिल्लो वेंचणूक अधिकारी एगना क्लेटस हांच्या हाजिरेंत, सगल्या नोडल अधिकाऱ्यां वांगडा पुनरावलोकन बसका जाली. एस. शार्यु आधे खर्च निरिक्षक; संतोष देसाय, पुलीस अधीक्षक रमेश गांवकार, अतिरिक्त कलेक्टर; आनी वेल्टन टेलीस, उपजिल्होधिकारी हांकां, फोंडा विधानसभा मतदारसंघांच्या पोटवेंचणुकेच्या नदरेन, कायदो आनी सुवेवस्था परिस्थिती सयत, सगळ्यो तयारी सुनिश्चीत करपा खातीर हि बसका जाली. सगल्या नोडल अधिकाऱ्यांनी वेंचणुके संबंदीत, वेवस्थेची म्हायती दिली. सोरो, ड्रग्स आनी हेर प्रलोभनांचेर खर नदर दवरल्या आनी नेमाचें कसलेंय उल्लंघन जाल्यार, कायद्याची अंमलबजावणी करपी संस्थांक, बेगोबेग कारवाय करपाचो निर्देश दिला. तशेंच टपाल मतपत्रिकांचें योग्य वेवस्थापन, वेळार धाडप आनी सुरक्षीत सांठोवपाचेर भर दिलो. 'स्ट्रॉंग रूम' सुरक्षेचो ह्यावेळार नियाळ घेतलो आनी थंय घटमूट सुरक्षा वेवस्था आनी नियंत्रीत प्रवेश आसचे, अशी दिका दिली. खास करून मतदाना दिसा आदीं, म्हत्वाच्या 72 वरां खातीर 'मानक संचालन प्रक्रिया' तयार करपाचेर खासा लक्ष दिलें. तशेंच सगल्या खात्यांक एकामेकां कडेन लागींचो समन्वय दवरून, भारताच्या वेंचणूक आयोगाच्या मार्गदर्शक तत्वांक, खरपणान पाळो दिवपाचे ह्या बसकेंत निर्देश दिल्यात.

इस्टर

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी, ईस्टराच्या प्रसंगार समेस्त गोंयकारांक खास करून, क्रिस्तांव भावांभयणांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. राज्यपालानी आपल्या संदेशात म्हटला कि, शांतीकायेचे प्रेषीत जेजू क्रिस्ताच्या कीर्तवंत पुन-र्जिवीताचो दीस म्हूण, ईस्टर मनयतात. ईस्टर पवित्र आनी म्हत्वाची परब, जी आस्ता, नवीनीकरण आनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या, जीणेच्या जैताचे प्रतीक आसा. आयच्या ह्या शुभ प्रसंगार आमी जेजू क्रिस्तान, दाखयिल्ल्या मार्गार चलपाची आमची कटीबद्दता घट करूया, आनी आमच्या राज्याची प्रगती आनी भरभराटी खातीर यत्न करूया.

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी गोंयकरांक इस्टराच्या निमतान परबीं दिल्या. मुख्यमंत्री डॉ.सावंत हांणी आपल्या संदेशांत म्हणलां की, "इस्टर हो वायट शक्तींचेर जैत मेळोवपाची म्हत्वाची खूण आनी दैवी प्रतीक आसा. इस्टर भावार्थ आनी आशेचो खोलायेन संदेश दिता. गरजेवंतांक पावपाक, पिडितांक उबारपाक, आनी सगळ्यांनी एकठाय येवपाचे आवाहन करता, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

‘ईसीनेट’

मतदारांनी आपल्या विधानसभा मतदारसंघांतल्या उमेदवारांची शिक्षणीक पात्रताय आनी गुन्यांवकारी फाटभूंय, हांचे विशीं सविस्तर म्हायती मेळोवपा खातीर, ‘ईसीनेट’ प्लॅटफॉर्म वापरूं येता, अशें वेंचणूक आयोगान स्पश्ट केलां. तशेंच उमेदवारांनी दाखल केल्लें पुराय प्रतिज्ञापत्र, मतदार डावनलोड करूंक शकतात. ईसीनेट हि संवसारांली सगळ्यांत व्हड वेंचणूक सेवा माची आसा.

महेश

फोंडा हांगा येरादारी वेवसायिकांची खाशेली बसका जाली. हे बसकेंक रितेश नायक, आदले खासदार नरेंद्र सवईकर, नगरसेवक वेंकटेश नायक, विनय सिंग, सुशील शर्मा, हेमंत पाटील आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. राज्यांत येवपी वाहन चालकां खातीर मुळाव्या सुविधांचो उणाव आसा, अशें वेवसायीकांनी सांगलें. विश्रांती कक्ष, शौचालय, कॅन्टीन आनी वैजकी सेवांचो उणाव, हो गंभीर प्रस्न आसा, अशें तांणी नदरेक हाडलें. गोयात माल येरादारी क्षेत्राक नवी दिशा दिवपी महत्त्वपूर्ण घोषणा करत, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी फोंड्यात अत्याधुनिक ट्रान्सपोर्ट हब उभारपाचो निर्धार उक्तायलो. 24 वरां प्रवास करपी ट्रक चालकांक गरजेच्यो सगळ्यो सुविधा एकाच सुवातेर उपलब्ध करून दिवप, हो सरकाराचो हेत आसा. फोंड्यात उभारपी हो ट्रान्सपोर्ट हब फक्त पार्किंग वा थांबो केंद्र नासून, तो 'वन-स्टॉप सोल्यूशन' म्हणून विकसित करतले. ह्या येरादारी केंद्राक लागून रोजगार मेळपाची आनी लॉजिस्टिक केंद्र म्हणून फोंडाचें म्हत्व वाडपाची शक्यताय आसा.

कायदो - ऑनलायन प्रवेश सुरू

गोंय राज्य उच्च शिक्षण संचालनालयान, आपल्या प्रशासकीय नियंत्रणा खाला आशिल्ल्या अनुदानीत कायदो म्हाविद्यालयांनी शिक्षणीक वर्स २०२६-२७ खातीर ऑनलायन प्रवेश सुरू केला. तातूंत व्ही. एम. साळगांवकार महाविद्यालय मिरामार आनी कारे महाविद्यालय मडगांव हांचो आसपाव आसा. अधिकृत अधिसुचोवणे प्रमाण, २ एप्रील ते १३ एप्रील २०२६ मेरेन ऑनलायन अर्ज करपाची मुजत आसा. बीए एल.एल.बी आनी हेर अभ्यासक्रमाखातीर, प्रवेश मेळोवपाक सोदपी विद्यार्थ्यांक, डी.एच.ई गोंय संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्या, समर्थ ई-गव्ह पोर्टला वरवीं अर्ज करपाक मेळटले.

आयपीएल

आयपीएल क्रिकेटांत, काल रातीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत राजस्थान रॉयल्सान, गुजरात टायटन्साक, 6 धांवड्यांनी हारयलो. आयच्या मॅचींत सनरायझर्स हैदराबाद आनी लखनौ सुपर जायंटस ह्या पंगडामदी दनपरा ३.३० वरांचेर, हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमांत खेळ जातलो. जाल्यार आयचे दुसरे मॅचींत, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू, चेन्नय सुपर किंग्स आड खेळटलो. बेंगळुरूच्या एम चिन्नास्वामी स्टेडियमार सांजे 07:30 वरांचेर, हि मॅच सुरु जातली.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 34.2 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 23.8 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार